22.03.2025 @ 6.30

अर्थ अवर

संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली वर्सुकी कार्यावळ अर्थ अवर कार्यावळ आज मनयतात.व्यक्तींक, समुदाय आनी वेवसायांक धर्तरे खातीर एक वर दिवपाक प्रोत्साहन करप आनी देखून मार्च म्हयन्याच्या निमाण्या शेनवारा सांजवेळा 8:30 ते 9:30 मेरेन एक वर अनावश्यक विद्युत दिवे बंद करून, ग्रहा कडेन आशिल्ल्या वचनबद्धतेचें प्रतीक म्हणून मनयतात.  ऑस्ट्रेलियांतल्या सिडनी शारांत 2007 वर्सा सहज म्हण लायटी बंद करपाची कार्यावळ म्हणून सुरू जाली. ऑक्टोबरांत जाल्ल्या यशस्वी कार्यावळी उपरांत आयोजकांनी मार्च २००८ वर्सा जावपी अर्थ अवराक आदार दिवपाचें थारायलें.

अर्थ अवर हो ऊर्जा/कार्बन उणो करपाचो यत्न असो दावो करिना, तर तो एक प्रतीकात्मक कृती. संवसारभरांतल्या व्यक्तींक, वेवसायांक आनी सरकारांक तांच्या पर्यावरणीय पावलाची जापसालदारकी घेवपाक आनी आमच्या पर्यावरणीय आव्हानांक खऱ्या अर्थान उपाय दिवपी संवाद आनी संसाधनांच्या देवाणघेवाणीत सहभागी होण्यास प्रोत्साहित करण्यासाठी एक.

या वरसची  अर्थ अवर थीम- उदका बाबत शणे जायात ही आसा जी , जलसंवर्धन आणि शाश्वत पद्धतींची तातडीची गरज अधोरेखित करता..

उदका दिस

संवसारीक उदका दिसा निमतान केंद्रीय उदका संसाधन मंत्री सी.आर.  हाणी उदकाचे संकश्ट संवसारीक हुस्को जाला, पूण ह्या आव्हानाच संदीत रूपांतरित  करपी राष्ट्र म्हणून भारत उबो आसा अशें सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान फकत उदका संवर्धन हो धोरणात्मक विशय न्हय तर एक जनचळवळ केला अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत  पाटील हांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, जल जीवन मिशनान कोटीन घरांक नळाचें उदक पुरवण  लां, अटल भुजल येवजणेन उदकाची पातळी उणी जावपा विशीं जागृताय निर्माण केल्या आनी अमृत सरोवरान उदका संसाधनांक नवी जीण

दिल्या.अंदूंचो विशय हिमनदी संवर्धन आसा, जाका लागून सैमा कडेन संतुलन  आनी जागृताय हो उदकाच्या संकश्टाचेर एकूच कायमस्वरूपी उपाय अशें सगळ्यांक याद करून देता अशें मंत्री पाटील हांणी सांगलें. दर एका थेंबाचे रक्षण करचें आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर जलसंपन्न भारत तयार करपाचें सोपूत घेवचो  अशें पाटील  लोकांक आवाहन केलें.

Modi udak

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज संवसारीक उदका दिसा उदका संवर्धन आनी शाश्वत उदरगतीक चालना दिवपा खातीर देशाची वचनबद्धताय पुष्टी केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी उदका संवर्धनाचे म्हत्व सांगपी व्हिडियो शेअर केला. उदक ही संस्कृतायेची जीवरेखा आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर ताची राखण करपाची गरज आसा हाचेर ताणें भर दिलो. हो दीस गोड्या उदकाचें म्हत्व अधोरेखित करता आनी उदका संसाधनांचें टिकावू वेवस्थापन करपाचो समर्थन करता. संवसारभरांतल्या उदकाच्या संकश्टाक तोंड दिवपा खातीर जागृताय करप आनी कृती करपाक प्रेरणा दिवप हो संवसारीक कार्यावळीचो हेत आसा. 2030 मेरेन सगळ्यां खातीर उदक आनी नितळसाण सुनिश्चीत करपाचो हेतू आशिल्ल्या शाश्वत उदरगत ध्येय (एसडीजी) 6 कडेन ह महोत्सवचो लागींचो संबंद आसा.

भारतांतली एक मुखेल संरक्षण जहाज बांदपी कंपनी गोवा शिपयार्ड लिमिटेड (GSL) न आयज प्रकल्प 11356 (यार्ड 1259) ची दुसरी फ्रीगेट 'तवस्य' चे यशस्वी प्रक्षेपण करून आनीक एक इतिहासीक पावदो गाठला. संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हांच्या हाजिरेंत नीता सेठ हांणी ह्या जहाजाचे  औपचारीक उक्तावण केलें. ११३५६ च्या या दुसऱ्या फ्रिगेटच्या बांधकामात मदत दिवपी सगळ्या ज्ञात-अज्ञात हातांचे हांव उपकार मानतां अशे सेठ हांणी हे वेलार उलयतना म्हणलें. गोवा शिपयार्ड लिमिटेड आत्मनिर्भर भारताचें ध्येय साध्य करपाक सतत यत्न करता.फुडल्या 5 वर्सांत सुमार 60 प्रकल्प पुराय जातले आनी तातूंतल्या 9 प्रकल्पांक गोवा शिपयार्ड लिमिटेड योगदान दितली.ह्या प्रकल्पाक 14,000 कोटी रुपया आसा ६ टक्के देशी घटक फ्रीगेटांत वापरिल्लें सगळें तिखें स्वदेशी बनावटीचे आसा.ह्या वेळार उलयतना व्हायस एडमिरल एस. जे. सिंग हांणी म्हणलें, आज

प्रोजेक्ट ११३५.६ च्या धाव्या जहाजाच्या आणि या श्रेणीतल्या दुसऱ्या स्वदेशी जहाजाच्या प्रक्षेपणान आमि खरोखरच एक महत्त्वाचा टप्पा गाठू, जो देशाच्या जहाजबांधणी उद्देगाची आणि क्षमतेची स्थिर वाढ आणि प्रगती दर्शयता ह्या वेळार उलयतना जीएसएलचे सीएमडी ब्रजेश कुमार उपाध्याय हांणी देशा खातीर एक धोरणात्मक संरक्षण संपत्ती म्हूण शिपयार्डच्या उल्लेखनीय उदरगतीचेर भर दिलो. ह्या कार्यक्रमाक व्हायस एडमिरल एस जे सिंग, व्हायस एडमिरल राजाराम स्वामीनाथन, तशेंच संरक्षण मंत्रालयांतले अधिकारी, भारतीय नौदलाचे वरिश्ठ अधिकारी आनी जीएसएल कर्मचार्या सयत वरिश्ठ मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

## मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज बिहार दिसा निमतान राज्यांतल्या लोकांक परबीं दिली. प्राचीन काळापासून ज्ञान आणि विकासाची भूमी म्हणून बिहाराची तोखणाय सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपती मुर्मू हांणी केली. बिहारांतले लोक आपल्या प्रतिभा, दृढनिश्चय आनी कठोर परिश्रमा वरवीं विकसीत बिहार आनी भारताच्या निर्मितीत योगदान दितले अशी आस्त तांणी उक्तायली.प्रधानमंत्र्यान बिहाराक वीर आनी महान व्यक्तींची पवित्र भूंय अशें वर्णन केलें. भारतीय इतिहासाक अभिमानास्पद हें राज्य आयज आपल्या उदरगतीच्या प्रवासांत म्हत्वाच्या पांवड्यांतल्यान वता अशें तांणी सांगलें.हे प्रगतींत बिहारांतले कष्टकरी आनी प्रतिभावान लोकांची म्हत्वाची भुमिका आसा हाचेर मोदी हांणी भर दिलो. भारताचे संस्कृताय आनी परंपरेचें केंद्र आशिल्ल्या बिहाराची सर्वांगीण उदरगत सुनिश्चीत करपा खातीर कायुच उणीव सोडचो ना अशें तांणी आश्वासन दिलें.